**<u>महात्मा गांधीजींच्या जीणेचेर आयोजीत आंतर महाविद्‌यालयीन</u>**
**<u>प्रस्नोत्तरी सर्तीत धेंपे महाविद्‌यालय जैतवंत</u>**

ता. 27 ऑगस्ट 2019

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान महात्मा गांधीजींच्या 150 व्या जयंती वर्सा निमतान आयोजीत केल्ल्या राज्य पातळीवयल्या आंतर महाविद्‌यालयीन प्रस्नोत्तरी सर्तीत मिरामारच्या धेंपे कला आनी विज्ञान महाविद्‌यालयाच्या मिथीली जांजल आनी विशाल गिरी हांणी पयले बक्षीस मेळयले, जाल्यार केपेच्या सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य महाविद्‌यालयाच्या श्रेयश गांवकर आनी इंद्राणी कांदे हांणी दुसरे आनी मिरामारच्या फा. आग्नेल महाविद्‌यालयाच्या स्पर्धकांनी तिसरे बक्षीस मेळयले. “मोहनदास ते महात्मा- गांधीजीचो प्रवास” असो सर्तीचो विशय आशिल्लो. पणजेच्या मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरांत जाल्ल्या सर्तीत राज्यातल्या वट्ट 33 महाविद्‌यालयांनी वाटो घेतिल्लो.

श्री. नागेश सरदेसाय हे सर्तीचे क्विज मास्टर आशिल्ले. सर्तीच्या जैतवंताक 16 नोव्हेंबर 2019 दिसा राष्ट्रीय पत्रकारीता दिस कार्यक्रमात बक्षीसां भेटयतले.

सर्तीत वाटो घेतिल्ल्यां सगळ्यां स्पर्धकांक म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्यो संचालीका श्रीमती मेघना शेटगांवकर हांचे हस्तुकीं प्रशस्तीपत्रां भेटयली. सर्तीच्या उक्तावणाच्या कार्यक्रमात उलयताना श्रीमती शेटगांवकर हांणी सरकारी कार्यक्रम, धोरणां, येवजणों, उदरगतीचे प्रकल्प आनी हेर उपक्रमांची म्हायती वृत्तपत्रां आनी इलेक्ट्रॉनिक माध्यमां वरवीं लोकांमेरेन पावोवपाचे काम नोडल एजन्सी म्हुण म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते करता अशें सांगलें. तशेंच ह्या प्रस्नोत्तरी सर्ती प्रमाण खात्यावतीन विंगड विंगड सर्ती आनी कार्यक्रम आयोजीत करपात येतात, अशेंय संचालकांनी म्हणलें.

म्हायती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक हांणी येवकाराच्या उलोवपात महात्मा गांधीजींची 150 वी जयंती राष्ट्रीय पातळीचेर 2 ऑक्टोबर 2018 ते 2 ऑक्टोबर 2020ह्या दोन वर्साच्या काळात मनोवपात येता अशें सांगून म्हायती खात्यावतीन अशा तरेन विद्‌यार्थ्यांखातीर ह्या पयलीय प्रस्नोत्तरी सर्ती आयोजीत केल्ल्याचे म्हणले.

श्री. श्याम गांवकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/५४९

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA